**Panaji Regional**

**1st September 2025 7.25 am**

देशाक वोकल फॉर लोकल ह्या मंत्रान आत्मनिर्भर भारत आनी विकसीत भारताच्या ध्येया कडेन मुखार वचपाक जाय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. ते काल आकाशवाणी वेल्या मन की बात कार्यावळींत उलयताले. सणासुदीच्या काळात देशवासीयांनी स्वदेशी विसरूंक फावना अशे तांणी म्हळें.

सणाच्या आनंदात नितळसाणेचेर भर दिवपाक जाय कारण जंय नितळसाण आसता थंय उत्सवांचो आनंदूय वाडटा अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. एक भारत श्रेष्ठ भारताची भावना देशाचे उदरगती खातीर खूब म्हत्वाची आनी तातूंत खेळांचो व्हड वांटो आसा अशें तांणी सांगलें.

प्रधानमंत्र्यांनी डिजिटल प्लॅटफॉर्म प्रतिभा सेतूचो उल्लेख केलो, जातूंत यूपीएससीच्या वेगवेगळ्या परीक्षांचे सगळे टप्पे उत्तीर्ण जाल्ल्या पूण अंतिम गुणवत्ता यादीत तांचे नाव येवंक नाशिल्ल्या उमेदवारांचो डेटा आसा. तांणी म्हळें, या पोर्टल वरवीं खाजगी कंपनि ह्या होनहार विद्यार्थ्यांची माहिती मेळोवंक शकतात आणि तांका नोकरी दिवपाक शकतात.

रामायण आणि भारतीय संस्कृतीचे प्रति प्रेम आता जगाच्या कानाकोपऱ्यात वाढता अशे प्रधानमंत्र्यांनी सांगले.

भारतीय संस्कृतायेचो प्रभाव संवसारांतल्या ल्हान शारांनी लेगीत पळोवंक मेळटा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

15 सप्टेंबराक भारताचे व्हड इंजीनियर मोक्षगुंडम विश्वेश्वरैय्या हांची जयंती. आमी तो दिस इंजीनियर दिस म्हणून मनयतात. इंजीनियर फकत मशीन तयार करिनात, तर ते सपनांक वास्तवांत रुपांतरीत करपी कर्मयोगी आसतात अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. विश्वकर्मा जयंती 17 सप्टेंबराक आसा, अशे तांणी सांगले. हो दीस देशांतल्या विश्वकर्मा बांधवांक समर्पित आसा अशे मोदी हाणी म्हळें.

---

गणपत्ती बाप्पा मोरया, पुढच्या वर्षी लवकर या, अशे तरेच्यो घोशणा दीत काल आयतारा पाच दिसांच्या गणपती भाविकानी पावयले. गोंयांत चडश्या लोकांचे गणपती देड आनी पाच दिसांचे आशिल्ल्यान आता चवथ लागी लागी सोपल्या. काय जाणांचे गणपती सात दिसांचे आसतात जाल्यार भौशीक गणपती इकरा दिसांचे आसतात. दर्यादेगो तशेच विसर्जन थळांचेर काल सांजे सावन गर्दी जाल्ली. माथ्यार घेवन वा काय जाणानी गाडयेतल्यान मिरवणूक काडून गणपती पावयले.

गणपती विसर्जनाक लागून रस्त्यांचेर आयतार आसून लेगीत बरीच गर्दी आशिल्ली.

---------------------------------------

नाल्लाचो दर वाडिल्ल्यान 45 रूपया मेरेन नाल्ल उपलब्ध करून दिवपी उपक्रमाचो फलोत्पादन म्हामंडळ हे सप्तकात नियाळ घेतले. मागणी आनी म्हामंडळाक येवपी खर्चाचो विचार करून उपक्रम फुडें सुरू दवरचो काय ना, ताचो विचार जातलो, अशी म्हायती फलोत्पादन म्हामंडळाचे वेवस्थापकी संचालक चंद्रहास देसाय हांणी सांगलें. गोंयांत नाल्लांचें पीक सामकें उणें आयिल्ल्यान नाल्ल बरोच म्हारग जाला. बाजारांत 60 ते 100 रुपया अशें नाल्लाचें मोल आसा. हे फाटभुंयेर चवथी खातीर भायल्या राज्यांतल्यान नाल्ल हाडून तो लोकांक सवाय दरांत उपलब्ध करपाचो उपक्रम फलोत्पादन म्हामंडळान सुरू केलाे.

आतां मेरेन म्हामंडळान तीन खेपे मेळून वट्ट 75 हजार नाल्ल हाडलें. कर्नाटकांतल्यान हाडिल्ले सगले नाल्ल खपले. चवथीच्या दोन दिस पयली 25 हजार नाल्लांची रास आयली. 43 वा 45 रुपया एक अशा दरान म्हामंडळाच्य दुकानांचेर नाल्लाची विक्री जाल्या.

गोय वेधशाळेन आज राज्यांत पावसाचो येल्लो अलर्ट जारी केला. गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 31 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 2५ degrees celcius इतले आसतले.

बिहारांतल्या राजगीरात आशिया कप हॉकी चॅम्पियनशिपांत काल जाल्ल्या खेळांत भारतान जपानाक 3-2 अशे हारयलो. ह्या जैताक लागून भारतीय पंगड सुपर-4 त पावला.